Date :10/03/2026 प्रादेशिक  खबरो 7.20 pm

मुखेल खबरो

- लोकशाय मुल्यांक महत्व दीवन संसदेत,विधानसभा कामकाजात भासाभास जावप महत्वाचे आसा., अशे गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी  म्हणला
- युवा शक्ती ही भारताची व्हड ताकद आसा अशे लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हाणी म्हणला.
- Goa cashew महोत्सवाच्या चवथ्या आवृत्तीचे उक्तावण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.
- राज्यांतल्या ८० टक्के थळाव्या काजू उत्पादकांनी जीआय टॅग घालून आपलीं उत्पादनां बाजारांत हाडचीं अशें राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळाचे नोडल अधिकारी दीपक परब हांणी सांगलें.

लोकशाय मुल्यांक महत्व दीवन संसदेत,विधानसभा कामकाजात चर्चा ,भासाभास जावप महत्वाचे आसा.,नागरीकांचे प्रस्न सुटावे करपाखातीर सभाघराचे कामकाजाक चडानचड वेळ, चड कामकाजाची सत्रा जावप महत्वाचे आसा अशे गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी  राश्टकुल संसदीय संघाच्या  सातव्या क्षेत्राच्या समारोप सुवाळ्यावेळार उलयतना म्हणला.विरोधी पक्षातल्या सभासदांनी लोकांचे प्रस्न सुटावे करपाच्या नदरेतल्यान सभाघरात प्रस्न मांडपाक जाय  अशे तांणी म्हळा.तशेंच innovation, dynamism,  आनी inclusivness , नवे विचार,नवे तंत्रगिन्यानाक अपणावन बरे प्रशासन  सरकारान जनतेक दीवपाक जाय अशे मत राज्यपालान व्यक्त केला.

ह्यावेळार उलयतना लोकसभा सभापती ओम बिर्ला हांणी  ह्या दोन दीसाच्या परीशदेत 51 लोकप्रतिनीधींनी  वाटो घेतलो  ,तातुल्या 31 लोकप्रतीनीधीनी तांच्या प्रदेशावीशी एकेमेकावांगडा विचारांची देवाण घेवाण केली अशी म्हायती दीली. गुजरात,गोवा आनी महाराश्टाच्या  तरणाट्या लोकप्रतिनीधींनी  ह्यावेळार  वेपार,उद्देग, दर्यादिग वेवस्थापन,शाश्वत उदरगत, blue economy, पर्यावरण तशेंच हेर विशयाचेर चर्चा केली अशी  म्हायती ह्यावेळार तांणी दील्या.
आता भारत सरकारान बायलांक राजकीय आरक्षण दीला. ह्या आरक्षणाचो लाव पंचायत,नगरपालीका,विधानसभा,संसदेत बायलांक लोकप्रतिनीधी म्हण मेळपाक जाय. महत्वाची धोरणा आखतना बांयला प्रतिनीधी  महत्वाचे मुद्दे धोरणात हाडुंक शकता अशे तांणी म्हणला. ह्यावेळार गोंय विधानसभेचे सभापती गणेश गांवकार तशेंच उप- सभापती जोशुवा डीसौझा हांचे उलवप जाले.ह्या परीशदेत हरयाणा,आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटकाच्या सभापतीनी वाटो घेतील्लो.

युवा शक्ती ही भारताची व्हड ताकद आसा अशे लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हाणी म्हणला. विद्यार्थ्यांनी लोकशायेंत सक्रीयपणान वांटो घेवचो असो उलो ताणी मारलो. 2047 मेरेन भारत विकसित करपाची जापसालदारकी आतां तरणाट्यांचेर आसा अशें तांणी म्हणला.  निरशेल्ल्या मनशाक मुखार वचूंक मेळना-यश मेळोवपाक निर्धार, ध्येय स्पश्टताय आनी सतत यत्न जाय पडटा अशें सभापतीन म्हणले गोंय विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन करताना ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. BYTES 29 SEC
भारताची तरणाटी पिळगी राष्ट्राक विकसित भारताच्या ध्येया कडेन व्हरतली अशें लोक सभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी म्हणला.

Goa cashew महोत्सवाच्या चवथ्या आवृत्तीचे उक्तावण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ह्यावेळार गोंय रान म्हामंडळाची अध्यक्षा देविया राणे, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे,मंत्री दीगंबर कामत ,आमदार उल्हास तुयेकार, दाजी साळकार,निलेश काब्राल तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. explore, empower and enrich ह्या संकल्पनेचेर अंदुच्या काजु महोत्सवाचे आयोजन केला. काजु बाय आनी काजु बाॅय खाशेले आकर्शण थारले.

ह्या महोत्सवात फेणी,हुर्राक, काजु बियो तशेंच काजुच्या खाणाची तशेंच हस्तकलेच्या वस्तुची दालना मांडल्यात.10-12 एप्रिल ह्या काळात हो महोत्सव पणजे दयानंद बांदोडकार मैदानाचेर आयोजित केला.ह्या महोत्सवादरम्यान काजु शेती,जिन्नस, प्रक्रीया,बाजारपेठ हे वीशी ह्या मळावेल्या नामनेच्या मानेस्तांची मार्गदर्शन शिबीरा आयोजीत केला.

राज्यांतल्या ८० टक्के थळाव्या काजू उत्पादकांनी जीआय टॅग घालून आपलीं उत्पादनां बाजारांत हाडचीं. जका लागून सध्या बाजारांत आशिल्ल्या उण्या दर्ज्याच्या काजूचे विक्रीचेर कांय प्रमाणांत आळाबंद हाडूं येता अशें राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळाचे नोडल अधिकारी दीपक परब हांणी सांगलें. काजू महोत्सवाच्या तंत्रीक परिसंवादांत ते उलयताले. हेर काजुचे तुळेंत गोंयच्या काजुची रुच वेगळी आनी बरी आसा. हाकाच लागून गोंयचे काजू आनी ताचे संबंदीत उत्पादन संवसारभर फामाद जाल्यात. उत्पादनांचेर जीआय टॅग आसल्यार काजू शेतकार, उत्पादक आनी गिरायकांक फायदो जातलो, अशें परब हांणी सांगलें. गोवा काजू उत्पादक संघटणेन आपल्या वांगड्यांक वर्स २०२६ सावन फकत जीआय काजू विकपाची शिफारस केल्या. हाची अंमलबजावणी केल्यार नकली काजूची विक्री उणी जातली, अशें रोहित झांटये हांणी सांगलें.

सध्या गोंयांत दिसपट्टी सुमार १०,हजार स शे घरगुती एलपीजी सिलिंडराचे वाटप जाता आनी वाटपाचे हे प्रमाण हालींच्या भू-राजकी घडणुकां पयलीं आशिल्ल्या आंकड्या इतलेंच आसून सध्याची गरज भागोवपाक फावो तितलो सांठो आसा. सरकारी तेल कंपन्यांनी घरगुती एलपीजी वितरणाक प्राधान्य दिलां अशें सरकारी क्षेत्रांतल्या तेल कंपन्यांचे राज्यस्तरीय समन्वयक मधुरेंद्र पांडे हांणी सांगलें. गोंयांत पट्रोल, डिझेल आनी एलपीजी सिलिंडर हांची उपलब्धता सध्याची मागणी पुराय करपा करपाक शकता अशें राज्यांतल्या तेल विपणन कंपन्यांनी दिल्ल्याचें पांडे हांणी एका पत्रकांत सांगलां.

सेंसस २०२७ च्या सर्वेक्षणांखातीर प्रगणक आनी पर्यवेक्षक पांवड्यावेल्या तिसऱ्या पंगडाच्या प्रशिक्षणांक सुरुवात जाल्या. हे प्रशिक्षण सांगे आनी धारबांदोडा तालुक्यात चालू आसा. प्रगणक आनी पर्यवेक्षकांचेर सारकी म्हायती एकठांय करपाची जापसालदारकी आसा आनी ती तांणी सेवा भावनेन करची अशें आवाहन धारबांदोडा तालुक्याचे उप-जिल्होधिकारी अमितेश शिरवयकार हांणी केले. ह्या ३ दिसाच्या प्रशिक्षण कार्यावळीचे उक्तावण करतकच ते उलयताले. हें प्रशिक्षण शिबीर धारबांदोडेच्या उप-जिल्होधिकारी कार्यालयात चालू आसा. फाल्या ह्या शिबीराचो समारोप जातलो.

12 एप्रिलाक वीज खात्यावतीन दक्षीण गोंयांतल्या शेल्डेच्या वीज उपकेंद्रा वयल्यान सकाळी 7.00 ते सांजेची 4.00 वरां मेरेन दुरूस्ती कामा खातीर वीज पुरवण बंद करपात येतली आनी त्याखातीर 12 आनी 13 एप्रिल दिसा साळावली उदका प्रकल्पातल्यान मर्यादीत उदका पुरवण जातली आनी त्या

खातीर वयल्या काळात सांगे, केपे, साश्ट आनी मुरगांव तालुक्यांतल्या उदका पुरवणेचेर परिणाम जातलो. गिरायकांनी ह्या गैरसोयिची नोंद घेवची, अशें उदका पुरवण विभागान कळीत केला.

**प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज**

**मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात.**

**संपादकीय सहाय्यक पदाखातीर पिराय २५ ते ५० विद्यापीठाची**

**पदवी,पत्रकारितेत डिप्लोमा आणि तीन वर्सांचो पत्रकारितेचो**

**अणभव.**

**वृत्तवाचक पदाखातीर पिराय 25 ते 50,पदवी, कोंकणी भाषेत**

**निपुणता आणि कॅमेऱ्या मुखार सहज संवाद साधता येवपासारके**

**व्यक्तिमत्व आसप गरजेचे. सीजी ऑपरेटर पदावातीर, पिराय २१ ते ५० वर्सा आनी संगणक प्रमाणपत्रा सयत १२ वी उत्तीर्ण गरजेचे. वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पदवी सयत पत्रकारिता वा जनसंवादात डिप्लोमाजाय.**

**पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी**

**शिक्षिणक कागदपत्रा उपसंचालक (वृत्त), दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो,**

**पणजी हांगा दिवची**

पणजी बास्केटबॉल क्लबान गोंय बास्केटबॉल असोसिएशन आनी डॉन बॉस्को इंजिनियरिंग कॉलेज, फातोर्डा हांच्या जोड्पाल्वान न गोवा राज्य कनिश्ट बास्केटबॉल सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त सोमार, 13 ते बुधवार, 15 एप्रील मेरेन डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी कॉलेजीच्या मैदानार जातली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान3४.४औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.४औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३४.2औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.८ औंश सेल्सिअस नोंद जाला .

परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

- लोकशाय मुल्यांक महत्व दीवन संसदेत,विधानसभा कामकाजात भासाभास जावप महत्वाचे आसा., अशे गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी म्हणला
- युवा शक्ती ही भारताची व्हड ताकद आसा अशे लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हाणी म्हणला.
- Goa cashew महोत्सवाच्या चवथ्या आवृत्तीचे उक्तावण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.
- राज्यांतल्या ८० टक्के थळाव्या काजू उत्पादकांनी जीआय टॅग घालून आपलीं उत्पादनां बाजारांत हाडचीं अशें राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळाचे नोडल अधिकारी दीपक परब हांणी सांगलें.